आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :16/06/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां सायप्रसांतल्या इतिहासीक भोंवडेच्या दुसऱ्या दिसा निकोसियाच्या राष्ट्रपती भवनांत विधीपुर्वक येवकार दिलो. सायप्रसाचे राष्ट्राध्यक्ष निकोस क्रिस्टोडौलिडीस् हाणी आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां सायप्रसाचो सगळ्यांत व्हडलो नागरी भोवमान 'ग्रँड कोलार ऑफ दी ऑर्डर ऑफ दी मकारिओस थर्ड' भेटयलो .ह्या भोवमान खातीर प्रधानमंत्रीणी तांचे उपकार मानले उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सायप्रसाचे राष्ट्राध्यक्षवांगडा प्रतिनिधी पावंदयवेली उलोवणी केली. ह्या उलोवपांत वेपार, गुंतवणूक, मुळावी बांदावळ, तंत्रगिन्यान ह्या मुखेल विशयांचेर चर्चा जाली. हेवेळार दोनूय देशांमदले संबंद आनीक घटमूट करपाचे उपाय येवजणेचेर भासाभास जाली..

कर्मचाऱ्यांच्या भविष्य निधी संघटना म्हळ्यार ईपीएफओन वांगड्यांक अनधिकृत एजंटां कडेन संपर्क करप टाळचें तशेच फुकट आनी सुरक्षीत ऑनलायन सेवां खातीर अधिकृत ईपीएफओ पोर्टलचो वापर करचो अशें आवाहन केलां.ईपीएफओन आपली सेवा बेगोबेग , पारदर्शक आनी सगळ्या भागधारकांक वापरप्यांक सोंपें करपा खातीर जायत्यो सुदारणा केल्यात अशे कामगार आनी रोजगार मंत्रालयान सांगलें . ईपीएफओ कडेन कागाळींचेर नियंत्रण दवरपाची आनी निवारण करपाची पद्दत घटमूट आसा अशें मंत्रालयान सांगलां.

भारतान कार्यक्षमताय, गती आनी अचूक वेवस्थापनाच्या बळग्यार फाटल्या धा वर्सांत आपत्ती वेवस्थापनाच्या मळार म्हत्वाची कामगिरी केल्या अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी महळा .आयज नवी दिल्लींत राज्य आनी संघराज्यांच्या रिलीफ आयुक्त आनी आपत्ती प्रतिसाद दळांच्या परिशदेंत ते उलयताना तंणी सांगले (बाइट्स 26 सेक ).वेगवेगळ्या प्रकारच्या संकश्टांत सोडवणूकेखातीर जिल्लो पांवड्यार आपत्ती वेवस्थापन येवजण आसप म्हत्वाचें अशें सांगून शाहान फुडल्या 90 दिसांत दरेका जिल्ह्या खातीर जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन येवजण तयार करपाची सुचोवणी वेगवेगळ्या राज्यांच्या रिलीफ आयुक्तांक दिल्या.

केंद्र सरकारान जनगणना करपा खातीर आयज अधिसुचोवणी जारी केली. जनगणना दोन पावंदयार जातली . जम्मू-काश्मीर लडाख, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडतल्या बर्फाळ वाठारानी 1 ऑक्टोबर, 2026 सावण जाल्यार उरील्या राज्यनी 1 मार्च 2027 सावण जनगणना सुरू जातली आशे घरमंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत म्हणलां. जनगणनेच्या पयल्या टप्प्यांत घरांची वळेरी, मालमत्ता आनी सुविधा हांचे विशीं म्हायती एकठांय करतले, जाल्यार दुसऱ्या टप्प्यांत लोकसंख्याशास्त्रीय, समाजीक-आर्थीक आनी जाती संबंदीत म्हायती एकठांय करतले.हे प्रक्रियेंत डिजिटल ॲप आनी स्वताची गणना करपाची सुविधाय उपलब्ध करून दिल्या.

पयलीं वर्साक एकेच फावट जावपी नर्सिंग अधिकारी भरती सादारण पात्रताय चांचणी-NORCET आतां वर्साक दोन फावटीं जातली अशे भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सांगलां .  ह्या उपक्रमाक लागून वेळार भरती आनी अखंड दुयेंती जतनाय सेवा सुनिश्चीत जातली..

संरक्षण सायबर संस्थन  आयज राष्ट्रीय पांवड्यार सायबर सुरक्षा घटमूट करपा खातीर सायबर सुरक्षा सराव सुरू केलो. राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या संस्था आनी संरक्षण क्षेत्रांतले 100 परस चड भागधारक ह्या कार्यावळींत वांटेकार जातात. हो सराव ह्या म्हयन्याचे 27 मेरेन चालू उरतलो.

इझ्राएल आनी इराण हांचे मदीं झूज आयज सेगीत चवथ्या दिसा चालू आसा. झुज थांबवपाचे आंतरराश्ट्रीय यत्न जाले तरी दोनूय वटांनी एकामेकांचेर क्षेपणास्त्र हल्ले सुरू आसात. आयज सकाळीं इराणान इझ्राएलाच्या तेल शुध्दीकरण कारखान्याक लक्ष्य केलें.ह्या हल्ल्यांक लागून दोनूय देशांतल्या  शेंकड्यांनी लोकांक मरण आयलां आनी मालमत्तेचे  व्हड प्रमाणांत लुकसाण जाला. संघर्श थांबवपा खातीर आंतरराश्ट्रीय दबाव वाडत आसलो तरी दोनूय देशां मदीं तणाव चालूच आसा

भारतिय हवामान खात्यान दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयतल्या काय सुवातिनि आयज घोगयानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.तशेंच फुडल्या दोन-तीन दिसांत छत्तीसगढ, गुजरात, केरळ आनी ईशान्य राज्यांतल्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय imd  उक्तायला

अल्टीमेट टेबल टेनिस सीझन 6 च्या निमणे खेळत मुंबयच्या यू मुंबा पंगडन जयपुर पॅट्रियट्स पंगडचेर 8आड 4 अशी मात करून जैत जोडले